०९.०३.२०२६ ७.२० PM

गोंयचो gsdp आकडो ३० टक्कयावेल्यान २७ टक्कयार पावला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

सरकारान टॅक्सी एग्रीगेटराविंशी मसूदो धोरण तयार केला तो रद्द् करचो अशी मागणी विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी आयज विधानसभेत केली

आखाती देशात चलील्ल्या गेर्राच्या परीस्थितीच्या फांटभुयेंर रांदपाक लागपी गॅसीचो उणावा विशी संबंधित कैंद्रिय मंत्रालयाकडे पत्र वेव्हार केला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली

पणजी म्हापालिका वेंचणुके खातीरचो जाहीर प्रचार आयज सोपलो

रश्मि 185

गोंय राज्याची अर्थिक स्थिती शाबुत दवरुन अर्थिक नियोजन करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान काम करचे. राज्याचो रिणाचो आकडो वाडटा, काडिल्ले रिण सरकार कशा पध्दतीन फारीक करतलो काय असो प्रस्न बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांकां केलो. ह्यावेळार गोंयचो gsdp आकडो ३० टक्कयावेल्यान २७ टक्कयार पावला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. जाल्यार ही आकडेवारी २५ टक्याचेंर हाडपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता अशी म्हायती तांणी दिल्या. गोंय राज्याची अर्थिक परीस्थिती घटमुट आसुन २०२१ वर्सासांवन सरप्लस बजट आसून FRBM लिमिटाप्रमाण आसा अशे म्हणला. कैंद्र सरकाराच्या विशेश अर्थिक सहाय्य येवजणेवरवी केपिटल इनवेस्टमेन्टां खातीर सरकार फुडल्या अर्थिक वर्साक ४५०० ते ५ हजार रुपया घेवपाचे येवजिता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. निति आयोगान गोंयांक राज्या फीस्कल मेनेजमेन्टांच्या पावंड्यार तीसरो नंबर दिला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सरकार रिण काडुन सण करता असो आरोप करीत २०२२ ते आजुनमेरेन सरकारान ६७७ कोटी रुपया फकत वेगवेगळ्या कार्यावळीच्या आयोजनांखातीर खर्च केला अशे म्हणले. सरकारान

अशे खर्च करचे टाळचे अशी सुचोवणी तांणी मुखेलमंत्र्याक ह्यावेळार दिली. जाल्यार आमदार विरेश बोरकार हांणी विनियोग प्रमाणपत्र दिंव नाशिल्लया कारणान बरीचशी कामा अडकुन उरल्यात अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

प्रसाद 110

संवसारीक बायलां दिसा निमतान कल्याण आश्रम गोंय, 'बेंदूरडे - केपे' फांट्यान एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडली. समाजांतल्या बायलांचें योगदान आनी तांचें सशक्तीकरण हांचेर ह्या कार्यावळींत भर दिल्लो. कल्याण आश्रम गोंयचे अध्यक्ष वेकू गावडे हांच्या हाजिरेंत ह्या कार्यावळीचें उक्तावण जालें. ह्या वेळार उलयतना तांणी बायलांक संघटीत जावन समाजाच्या उदरगतींत योगदान दिवपाचें आवाहन केलें. ह्या काऱ्यक्रमाक मुखेल वक्ता म्हूण सरिता बोरकार हाजीर आशिल्ली. ताणी बायलांची भलायकी, शिक्षण आनी आत्मनिर्भरता ह्या विशयांचेर मोलादीक कल्पना मांडली.

विशाखा वेळीप हांणी सगळ्या सोयऱ्यांक येवकार दिवन कार्यावळीची सुरवात केली. संस्थेचे सचीव काशीनाथ गावडे हांणी आपल्या प्रस्तावना भाशणांत कार्यावळीचो हेत स्पश्ट केलो. ह्या काऱ्यक्रमाचें खाशेलें आकर्शण म्हळ्यार गांवांतल्या स ज्येश्ठ बायलांचो समाजाक तांणी दिल्ल्या योगदाना खातीर संस्थेची बायलां मुखेली कुंतल केळकार हांणी भोवमान केलो.

रश्मि 190

सरकारान टॅक्सी एग्रीगेटराविंशी मसूदो धोरण तयार केला तो रद्द् करचो अशी मागणी विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी आयज विधानसभेत केली . प्रसनोतराच्या वराक तांणी गोंयातंल्या टॅक्सी वेवसायिकांचो विशय सुटावो करपाक सरकार किते उपयाय येवजण करता काय असो प्रस्न केल्लो. तशेच सराकारन जो एग्रीगेटर मसुदो धोरण तयार केला. ताका ९३ टक्के टॅक्सी वेवसायिकांनी म्हणलयार सुमार ३८०३ विरोध करपी अर्ज सादर करुन विरोध केला जाल्यार फकत २९० जणांनी ह्या मसुद्याक सहमती दाखयला अशे सबाघराच्य नदरेक हडुन दिले. ८ म्हयने जाले तरी लेगीत सरकारा संबंधित प्रस्न सुटावो करपाक अपयेसी थारला असो आरोप तांणी ह्यावेळार केलो.

ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी एकदा नवी डीजीटल टॅक्सी धोऱण तयार जाले काय आदलो मसुदो धोरण रद्द जातलो अशे सांगले.

ह्या प्रस्नाक जाप दितना येरादारी खात्याचे मंत्री माविन गुदिन्हो हाणी सध्या भाजी , किराणाचे सामान लेगीत ऑनलायन जाला अशे म्हणीत गोंयचो ट्रक्सी वेवसाय डीजीटल जावप महत्वचे आसा, पर्यटकांक तशेच थलाव्या लोकाकं ह्या डीजीटल माध्यमातल्यान टॅक्सीची बरी सेवा मेळटली अशे म्हणले. तशेचं टॅक्सी वेवसायिकांचे प्रस्न सुटावे करपाक फुडल्या ८ दिसाभितर येरादारी खात्याच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका जातली. ह्या बसकेत टॅकसीकारांचे जे बारीक सारीक प्रस्न उरल्यात ते सुटावे करपाच्य नरेतल्यान काम अशी म्हायती मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिल्या.

रश्मि 330

आखाती देशात चलील्ल्या गेर्राच्या परीस्थितीच्या फांटभुयेंर रांदपाक लागपी गॅसीचो उणाव जाव येता, हाचो थेट पीरणाम गोंयच्या प्रत्येक घरासयत, हॉटेल वेवसायाचेंर जातलो. सराकारन हे विशी पट्रोलियम मंत्रालयाक पत्र बरोवन प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी शुन्य वराक केली. हे विंशी संबंधित कैंद्रिय मंत्रालयाकडे पत्र वेव्हार केला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली.

कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हांणी लायटीची वाढीव बिला वीज गिऱ्हायकाखातीर शोक दिवपी थारल्या. बीलांचे मोल उणे करचे अशी मागणी शुन्य वराक केली. ह्या वेळार वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी उण्या लोडाचे वीज जोडणी घेंवन लोक चड लायटीचो उपेग करतात, ताका लागुन दंड दिल्लयान बिलाच्य मोलान वाड जाल्या अशे सांगले.

पेडणेची मामलेदार बिल्डींग सामकी बाबात स्थितीन आसा. थंय योवच करपाक त्रास जाता, लिफ्ट नाशिल्यान जाणटयांक त्रास जाता. पेडण्यात आय.टी.आयच्या कुशीक भौशिक बांधकाम खात्याची ८ हजार चौखण मीटर सुवात आसा. ह्या सुवातीत ही बिल्डींग बांधची अशी मागणी मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार हांणी शुन्य वराक केली .

राज्यात एन्टी रेबीस वाशिनाचो उणाव आसा. सध्या राज्यात हे वाशिन उपलब्ध ना. हाका लागुन रेबिस जाल्लो सुणो चावलो जाल्यार लोकांच्य जीवाक धोको तयार जाता. हो प्रस्न सुटावो करपाक सरकरान जाता तितल्या बेगीन ही वाशिना उपलब्ध करची कारण खासगी हॉस्पिटलांनी लेगीत ही वाशिना उपलब्ध ना अशे सभाघराच्या नदरेक हाडले . हो प्रस्न सुटावो करपाचे उतर ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिले . गोंय वैजकीय महाविद्यालय हॉस्पिटलात ओपरेशनांखातीर आईल्या दुयेतींक आनी वेन्टीलेटरा सयत आय.सी. यु खाटांचो उणाव आशिल्लयान ओपरेशना फुडे धुकलताातत अशे आमदार चंद्रकांत शेट्ये हांणी सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले. भलायकी खात्यान हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी तांणी ह्यावेळार केली.

हेडग्या कुत्र्याचो प्रस्न कोलवा वाठारात उप्रासला. हाका लागुन दर्यादेगेर येवपी पर्यटक, तशेच थळाव्या लोकांच्या सुरक्षेचो प्रस्न उपस्थित जाता. सराकरान जाता तितल्या बेगीन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी बाणावलीचे आमदार वेनझी विएगश हांणी केली जाल्यार आमदार विरेश बोरकार हांणी दिवचल कारापुर हांगा हाली बिबट्याच्या हल्याची वाडती प्रकरना कडे लक्ष वेधून लोक आता भियेल्यात देखून रान खात्यान जाता तितल्या बगीन हो प्रस्न सुटावो करचो. तशेंच राना नश्ट करुन प्रकल्पाक मान्यताय दिवची न्ही कारण ताका लागून रानटी जनावरांचे राबीतो करपाची सुवात ना जाता अशे म्हणले.

गणेश 110

पणजी म्हापालिका वेंचणुके खातीरचो जाहीर प्रचार आयज सोपलो. पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 69 उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आसा. पणजी म्हापालिके खातीर बुदवारा 11 मार्चाक मतदान जातलें. बाबूश मोन्सेरात हांचे फुडारपणा खाला भाजप पॅनल आनी उत्पल पर्रीकार हांचे फुडारपणा खाला बाबूश मोन्सेरात पॅनलामदी थेट लडत जातली. प्रचाराच्या निमणे दिसा उत्पल पर्रीकार हांणी पणजे खातीर जाहीरनामो जाहीर केलो.

जाहीर प्रचार सोपिल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांनी भारतीय न्याय संहितेच्या 163 कलमा खाला जमावबंदीचो आदेश जारी केला. हो आदेश आयज 9 मार्च सावन सकाळी 8 ते मतदान सोपा मेरेन 11 मार्च रोजी सांजे 6 मेरेन लागू आसतलो. हाका लागून चार परस चड लोकांचो जमाव तशेच सभा घेवपाचेर बंदी आसतली.

सुभाष 80

म्हापशेच्या सेंट झेव्हीयर महाविद्यालयान १७ मार्चाक  ' ओपन लॅब दिस ' आयोजीत केला. ह्या दिसा तांणी राज्यभरातल्या ८ वी ते १२वी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांक विज्ञान प्रयोगशाळा पळोवपाक आपोवणें दिलां. माध्यमिक शाळा आनी महाविद्यालय हांचे भितर समन्वय उरचो म्हूण अशे तरेची कार्यावळ आयोजित केल्या अशें सेंट झेव्हीयर महाविद्यालयाच्या जाळवणदारांनी सांगले. ज्यो शाळा ह्या 'ओपन लॅब दिस ' संधीचो लाव घेवंक सोदतात तांणी दरेकी २० विद्यार्थ्यच्या एका पगडा  सयत आनी एका शिक्षकाच्या फुडारपणाखाला ह्या प्रयोग शाळेक भेट दिवंची अशें ह्या विशींच्या खबरेंत म्हळां.

राजेश 50

गोवा पर्यटन खाते आणि साखळी शिमगोत्सव समिती यांच्या संयुक्त जोडपालवान फाल्या 10 आणि परवा 11 मार्च  अशे दोन दिस "लोकोत्सव 2026" कार्यावळ  जातली. साखळी रवींद्र भवांनालागीं  सांजवेळा 3:30 वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुण  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर असतले. खास सोयरी म्हुण सुलक्षणा सावंत आनी  साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हजर आसतली.

स्पोर्ट्स

गोवा जी एस बी स्पोर्ट्स अँड चेरीटेबल ट्रस्टच्या जी एस बी युनिटी कप क्रिकेट लीग खेळात डेझटर्स अँड मोएर एवेनजरसान के के strayकर्सचेर 9 धावडयानी हार घाली. गोवा फुटबॉल असोसिएशनच्या प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीत वास्को स्पोर्ट्स क्कबान चरचिल ब्रदर्स पगडांक 2 आड 1 गोल फरकान हारायले.

**वेदर 20**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 32.6 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 24.4   डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.